Aakashvani Panaji National bulletin 8.40 am 26th November 2025

PM SAESI - 98

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज हैदराबादच्या जीएमआर एरोस्पेस आनी इंडस्ट्रियल पार्कांत व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांतल्यान सफरन एअरक्राफ्ट इंजिन सर्विसेस इंडिया (एसएईएसआय) सुविधेचें उक्तावण करतले. एसएएसआय ही सफरानची अग्रणी विमान प्रणोदन इंजिनां खातीर समर्पीत देखरेख, दुरुस्ती (एमआरओ) सुविधा आसा अशे प्रधानमंत्री कार्यालयान निवेदनांत म्हणलां . हे सुविधे वरवीं पयलेच खेपे जागतीक इंजिन मूळ उपकरण निर्मात्यान (ओईएम) भारतांत एमआरओ ऑपरेशन स्थापन केलां. विमान क्षेत्रांत आत्मनिर्भरतायेच्या ध्येया कडेन एमआरओ सुविधा एक व्हड पावल थारतली. एमआरओंत देशी क्षमता विकसीत केल्यार परकी चलनातल्यान भायर सरप उणो जातलो, चड मोलाच्यो नोकऱ्यो निर्माण जातल्यो , पुरवण साखळींत लवचीकपण घट जातली आनी भारताक जागतीक विमानन केंद्र म्हूण सुवात मेळटली.

Constitution 83

आयज देशभरांत संविधान दिवस मनयतले. मुखेल कार्यावळ नवी दिल्लीच्या संविधान सदनच्या सेंट्रल हॉलांत जातली. ह्या कार्यावळीक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला, केंद्रीय मंत्री आनी संसद वांगडी हाजीर आसतले. प्रस्तावना वाचनाचे फुडारपण राष्ट्रपती कारतल्यो . ह्या कार्यावळी वेळार संविधानाची अणकारीत आवृत्ती णव भाशांनी प्रदर्शीत जातली. एक यादस्तीक पुस्तिका - भारत की संविधान से कला और सुलेख,य प्रदर्शीत जातली. ह्या वर्साच्या उत्सवाचो विशय हमारा संविधान-हमारा स्वाभिमान. ह्या प्रसंगाक निमतान शारां सावन गांवां मेरेन लोक प्रस्तावना वाचतले.

Sardar 257

सरदार@150 युनिटी मार्चाचो एक भाग आशिल्ली राष्ट्रीय पांवड्यावेली पदयात्रा आयज सरदार वल्लभभाई पटेलाच्या जल्मस्थान गुजरातांतल्या करमसादांतल्यान सुरू जातली. सुमार 190 किलोमीटर लांबायेच्या केवाडियाच्या स्टेच्यू ऑफ युनिटींत 6 डिसेंबराक 11 दिसांची ही पदयात्रा सोंपतली. सरदार@150 युनिटी मार्च हो सरदार वल्लभभाई पटेलाच्या 150व्या वाडदिसाचो भोवमान करपी देशव्यापी उपक्रम. भारताक एकवटीत करपाक ताची अतुलनीय भुमिकेचे हें प्रतीक आसा . आनंदांतल्या वल्लभ विद्यानगरांत जावपी यात्रा उक्तावण सुवाळ्यांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी वांटो घेतले. तशेंच गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल, केंद्रीय मंत्री मनसुख मांडवीया आनी निमुबेन बांभनिया ह्या उक्तावण सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे आसात. केंद्रीय मंत्री, मुख्यमंत्री, राज्यमंत्री, राज्यपाल, राज्यमंत्री आनी खासदार दर दिसा ह्या पदयात्राचें फुडारपण करतले. ह्या मार्गांत सरदार पटेलाच्या 150व्या जयंती दिसा खातीर प्रदर्शनां, सांस्कृतीक प्रदर्शनां, आनी समाजीक संलग्नताय सयत 150 विशयात्मक थांबयो आसतल्यो. पदयात्रा बरोबरच जिल्ह्यांनी उदरगत कार्यावळी घडोवन हाडटले, तातूंत उदका कुडींचेर नितळसाण मोहीम, “सरदार उपवन” उपक्रमांतल्यान झाडां रोवप, बायलांचें कल्याण शिबिरां, योग आनी भलायकी शिबिरां, आनी “थळाव्या खातीर गायन” मोहीम आसपावीत आसात. ह्या कार्यावळींचो हेतू नागरिकांक एकठांय हाडप, थळाव्या नवनिर्माणाची परब मनयप आनी तरणाट्यांची उर्जा राष्ट्र निर्मितींत व्हरप. दर दिसा सांजवेळा ग्रामसभा घडोवन हाडटले, ह्या वेळार गांव संपर्क कार्यावळी जातल्यो आनी एक भारत श्रेष्ठ भारताची भावना दाखोवपी सांस्कृतीक सादरीकरणां सादर करतले. एक भारताचो केंद्रीय संदेश आत्मनिर्भर भारत व्हरपी ही पदयात्रा पुरायपणान स्वदेशी आसतली. पदयात्री दर दिसा 15-18 वरा चलतले, शास्त्रीय आनी लोक सादरीकरण, एकचार विशयाचेर

आदारिल्ली कला, पारंपारीक खेळ आनी मुखेल सरकारी येवजण्यांचे प्रदर्शन अणभवतले जाल्यार राष्ट्रीय समाज सेवा एकक पदयात्राच्या मार्गांत लागसारच्या गांवांनी समांतर समाजीक उदरगत आनी जागृताय कार्यावळी करतले.

FTA 54

भारत आयज रशियेच्या फुडारपणा खाला युरेशियन अर्थीक संघटने कडेन मुक्त वेपार करारा खातीर  औपचारीक वाटाघाटी सुरू करतलो. 20 ऑगस्ट 2025 दिसा संदर्भ अटीचेर स्वाक्षरी जाले उपरांत रशिया, आर्मेनिया, बेलारूस, कझाकस्तान आनी किर्गिस्तान हांचो आस्पाव आशिल्ल्या पांच वांगड्याच्या ईएईयू कडेन एफटीए चर्चा नवी दिल्लींत सुरू जातली अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूश गोयलान जाहीर केलां.

**vadapav**

My father invented vadapav ह्या बीबीपी स्टुडीयो वर्चियुअल भारत  निर्मित लघुपटाचे स्क्रिनिंग आयज  इफ्फीच्या गोवा विभागावरवी जाले. वडापाव हो फकत  खाणाचो जिन्नस न्हं जाल्यार तो फामाद स्ट्रीट फुड , मात  वडा पाव सगळ्या मुखार कसो आयलो, तो लोकांच्या पसंतीक कसो पडलो, हाचे भोवतणी ह्या सिनेमाची काणी आसा. महाराश्ट्रात आनी देशातल्आ हेर भागात लेगीत  बरोच फामाद जाला. मात  वडापावाच्य वेवसायाफाटलो संघर्श, ताची एक आगली वेगळी काणी,वडापावाचो आयच्य काळात देसी बर्गर कसो जाला हे विंशी ह्या  लघुपटाची काणी भाश्ट करता.  ह्या सिनेमाचे दिग्दर्शन आनी स्क्रिनप्ले साईनाथ  उसकयकार. byte

Telangana 146

तेलंगणा राज्य वेंचणूक आयोगान फुडल्या म्हयन्याच्या 11, 14 आनी 17 तारखेक तीन पांवड्यार जावपी पंचायती वेंचणुकेचें वेळापत्रक जाहीर केलां. दरेका पांवड्यार मतदानाच्या दिसा मेजणी जातली. पक्षाभायर मतदान जातलें. काल सांजवेळा मिडिया परिशदेंत उलोवप करतना राज्य वेंचणूक आयुक्त रानी कुमुदिनी हांणी फाल्यां बिगर पक्षीय वेंचणुकेची प्रक्रिया सुरू जातली अशी म्हायती दिली. 31 जिल्हयांनी 12 हजार 728 सरपंच जागे आनी एक लाख 12 हजार 242 वॉर्ड पदां आसात. वेळापत्रका प्रमाण पयल्या पांवड्यार 4 हजार 236 पंचायतीं खातीर मतदान जातलें, जाल्यार दुसऱ्या पांवड्यार 4 हजार 333 आनी निमाण्या पांवड्यार 4 हजार 159 पंचायतीं खातीर मतदान जातलें.

सुमार 1 कोटी 60 लाख मतदार मतपत्रिका वापरून एक लाखां परस चड मतदान केंद्रांनी आपली मताधिकार वापरतले. कागाळी घेवपा खातीर तक्रार मॉड्यूल सुरू केलां आनी थोड्याच वेळान ॲप सुरू करतले अशी म्हायती आयुक्तान फुडें दिली.

Piyush 149

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हाणी, फाटल्या तीन म्हयन्यांत युरोपीय संघांत दर्यांतल्या खाणांचो निर्यात व्हड प्रमाणांत वाडला अशे सांगला . काल वेपार मंडळाचे बसकेचे अध्यक्षपद सांबाळून नवी दिल्लींत प्रसार माध्यम म्हायती दितना मंत्री गोयल हाणी , अंदू सप्टेंबरांत युरोपीय संघटणेन 102 दर्या आस्थापनांक मान्यताय दिल्या उपरांत ही वाड जाल्या अशे सांगलें . वेपारांतय फाटल्या वर्साच्या त्याच काळा परस वाड दिसून येता अशें तांणी नदरेक हाडलें. संवसारभर आव्हानात्मक परिस्थिती आसून लेगीत भारत एक लवचीक राष्ट्र जावन आसा अशे तांणी मुखार सांगलें .

केंद्रीय अर्थ मंत्री निर्मला सीतारमण हांणी , आयच्या भारताच्या गरजे प्रमाण वेवस्था जातली हाची खात्री करपा खातीर तिच्या मंत्रालयान आपल्या कायद्यांत आनी नेमांत  दुरुस्त्यो केल्यात अशे सांगलें .

Jaiswal 130

अरुणाचल प्रदेश हो भारताचो एक अभिन्न आनी अविभाज्य भाग आनी चीनी वटेनच्या खंयच्याय प्रमाणांत न्हयकार दिल्ल्यान ही निर्विवाद वास्तवताय बदलपाची ना. चीनाच्या विदेश वेव्हार  मंत्रालयान दिल्ल्या विधानां संबंदी प्रसार माध्यमांनी केल्ल्या प्रस्नाक जाप दितना विदेश वेव्हार  मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी अशें सांगलें. जयसवाल हांणी , अरुणाचल प्रदेशांतल्या एका भारतीय नागरिकाक ताब्यांत घेवपाचो प्रस्न चीनी वटेन खरपणान घेतला अशे सांगलें .

Imd

भारतीय  हवामान खात्यान आयज अंडमान आनी निकोबार जुंव्यांत  गडगड येवपा  वांगडाच उटानगराचो  पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .

Sports

फुटबॉलांत आयज गुजरातांतल्या अहमदाबाद हांगाच्या ईका एरिना हांगा जावपी एएफसी 17 वर्सा सकयल्या आशियाई कप साउदी अरेबिया 2026 क्वालिफायर गट डी मॅचींत भारत चीनी ताइपे कडेन खेळ जातलो . सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.